# फाल्या राष्ट्रीय बालिका दीस

ता. 23 जानेवारी 2020

बायलां आनी भुरगीं उदरगत संचालनालयावतीन फाल्या ता. 24 जानेवारी 2020 दिसा "राष्ट्रीय बालिका दीस" मनोवपात येतलो. सकाळी 9.30 ते दनपारा 12.00 मजगती पणजे मिनेझीस ब्रागांझा संस्थेच्या सभाघरात कार्यक्रम जातलो. उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी कार्यालयाच्या सहकार्यान आयोजीत करपात येवपी ह्या कार्यक्रमाक बायलां आनी भुरगीं उदरगत संचालनालयाचे सचिव श्री. चोखाराम गर्ग मुखेल सोयरे जाल्यार उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी श्रीमती आर. मेनका मानाच्यो सोयरी आसतल्यो.

कार्यक्रमात बेटी बचावो, बेटी पढावो संदेश दिवपी मोबायल बिल बोर्ड जायरातीचो शुभारंभ जातलो. तशेंच वेगवेळ्यां सर्तींच्या जैतवंतांक इनामां भेटयतले. त्याचवांगडा साक्षरी मोहिम, गीत, जादवाचो शो अशें कार्यक्रम जातले.अंगणवाडी सेविकां, कर्मचारी आनी विद्यार्थी कार्यक्रमाक उपस्थित रावतले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/64